१७-१२-२०२५

सकाळी - ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तांच्या तीन देशांच्या दौऱ्याच्या निमण्या पावंड्यात जॉर्डन आनी इथिओपियाच्या भेटींउपरांत आयज सांजे दोन दिसांच्या दौऱ्याखातीर ओमानात वतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका इथिओपियाचो सर्वोच्च भोवमानन, ग्रेट ऑनर निशान ऑफ इथिओपिया भेटयलो.

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी काल इस्रायलातल्या जेरुसेलमात इस्रायलचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहू हांची भेट घेतली.

18 डिसेंबर सावन प्रदुशण नियंत्रणाचें योग्य प्रमाणपत्र नाशिल्ल्या वाहनांक इंधन दिवचें ना, दिल्ली सरकाराचो निर्णय.

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी चलतल्या पाच टी-२० खेळामाळेतलो चौथो खेळ आयज लखनौत जातलो

प्रधानमंत्री - ओमान -१२०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तांच्या तीन देशांच्या दौऱ्याच्या निमण्या पावंड्यात जॉर्डन आनी इथिओपियाच्या भेटींउपरांत आयज सांजे दोन दिसांच्या दौऱ्याखातीर

ओमानात वतले. ओमानचे सुलतान हैथम बिन तारिक हांच्या आपोवणेवेल्यान तांचो हो दौरो आसा. मोदींवांगडा एक उचेल्यापावंड्यावेले शिष्टमंडळ ओमानात वतले. हे भेटीवेळार दोनूंय देशांमदी व्यापक आर्थिक भागीदारी करार (CEPA) जावपाची आस्त आसा. हेर खूपश्या कबलातींचेर हेवेळार सय जावपाची शक्यताय आसा अशें ओमानातले भारतीय राजदूत जी.व्ही. श्रीनिवास हांणी आकाशवाणीकडेन उलयताना सांगले. श्रीनिवास हांणी दोनूंय देशांमदले आर्थिक संबंध घटमूट करप हो ह्या कबलातींचो मुखेल हेत आसा अशें म्हळे. श्रीनिवास हांणी डिसेंबर 2023 वर्सा दोनूय देशांनी संयुक्त दृश्टीकोन दस्तावेज आपणायला अशें नोंद केलें. तशेंच व्यापक अर्थीक भागीदारी करार 2047 मेरेन भारताक विकसीत देश करपाच्या प्रधानमंत्री मोदीच्या दृश्टीकोना प्रमाण आसा अशें तांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री - इथिओपिया - 150

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका इथिओपियाचा सर्वोच्च भोवमानन, ग्रेट ऑनर निशान ऑफ इथिओपिया भेटयलो. भारत-इथिओपिया संबंध घटमूट करपाखातीर प्रधानमंत्रीमोदींच्या दूरदर्शी फुडारपणाची आनी संवसारीक राजकारणी म्हूण तांच्या योगदानाची दखल घेताना इथिओपियाचे प्रधानमंत्री डॉ. अबी अहमद अली हांणी तांका हो भोवमान भेटयलो. प्रधानमंत्रीमोदी आफ्रिकन राष्ट्र इथिओपियाच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार आसात. इथिओपिया ही संवसारात सगळ्यात प्राचीन संस्कृतींपेकी एक आसा आनी हो भोवमान मिळील्ल्यान सन्मानितदिसता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळे. तेआदी, प्रधानमंत्री मोदी आनी इथिओपियाचे प्रधानमंत्री डॉ. अबी अहमद अली हांचेमदी चर्चा जाली. दोनूंय देशांनी तांची धोरणात्मक भागीदारी वाडोवपाचेर सहमती उक्तायली. दोनूंय वटेन संयुक्त राष्ट्रांच्या शांतीकाय मोहिमेखातीर प्रशिक्षण, शीमशुल्क सारक्या गजालींमदी सहकार्य आनी इथिओपियाच्या विदेश मंत्रालयात डेटा सेंटरची स्थापना हेसंदर्भात समजीकायेच्या कबलातींचेर लेगीत सय केली. ही कबलात भारत-इथिओपिया संबंधांमदी नवीन ऊर्जा आनी गती निर्माण करतले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले.

आतंकवादाआडच्या झूंजात भारताक तेंको दिल्ल्याविशी तांणी इथिओपियाच्या फुडारपणाचे उपकार मानले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज इथिओपियाच्या संसदेच्या अधिवेशनात उलोवप करतले.

१००

भारत आनी जॉर्डन द्विपक्षीय संबंद इतिहासीक विस्वास आनी फुडाराच्या अर्थीक संदांचेर आदारिल्लो आसा. अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारत-जॉर्डन व्यापार मंचात मार्गदर्शन करतना सांगले . ताणी जॉर्डनाचो राजा दुसरो अब्दुल्ला इब्न अल हुसेना वांगडा दोनूय देशामदी सहकार्य वाडोवपाविशी सविस्तर चर्चा केली

राष्ट्रपती तामिळनाडू दौरो - ४०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज तामिळनाडूतल्या वेल्लोर हांगासरल्या श्रीपुरम सुवर्ण मंदिरात प्रार्थना करतल्यो. त्यो एका ध्यानमंडलाचे लेगित उक्तावण करतल्यो.तशेच हेवेळार देवळातल्या संकुलात झाडा लावपाच्या उपक्रमात लेगित त्यो वाटेकार जातल्यो. राष्ट्रपती मुर्मू २२ डिसेंबरमेरेन कर्नाटक, तामिळनाडू आनी तेलंगणासयत दक्षिणेतल्या राज्यांच्या सप्तकभराच्या दौऱ्यार आसात.

दिल्ली प्रदूषण -

दिल्ली सरकारान वायु प्रदुशणाचो प्रस्न सोडोवपा खातीर खर उपाय केल्यात. 18 डिसेंबर सावन प्रदुशण नियंत्रणाचें योग्य प्रमाणपत्र नाशिल्ल्या वाहनांक इंधन दिवचें ना अशें दिल्लीचे पर्यावरण मंत्री मंजिंदर सिंग सिरसान पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. बांदकाम साहित्य दिल्लींत व्हरपी ट्रकांचेर पुराय बंदी आसतली. बीएस-6 रेटिंग नाशिल्ल्या दिल्ली भायल्यान येवपी खाजगी वाहनांकय राजधानींत प्रवेश मेळचो ना. आतामेरेन खंयचेच सरकार 9-10 म्हयन्यांत प्रदुशण पुरायपणान ना करपाक शकलेना अशें पर्यावरण मंत्री मंजिंदर सिंग सिरसा हांणी सांगलें. आम

आदमी पक्ष सरकारान आपल्या कार्यकाळांत कसलेंच ठोस पावल उखल्लें ना असो आरोपूय तांणी केलो.

जयशंकर - इस्रायल - ९०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी काल इस्रायलातल्या जेरुसेलमात इस्रायलचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहू हांची भेट घेतली. दोनूंय वटेन तंत्रगिज्ञान, अर्थवेवस्था, कौशल्य आनी प्रतिभा, जोडणी आनी सुरक्षा ह्या मळार सहकार्य घटमूट करपाचेर चर्चा केली, अशें सोशल मीडिया पोस्टात डॉ. जयशंकर हांणी म्हळें. डॉ. जयशंकर हांणी प्रादेशिक आनी जागतिक मुद्द्यांचेर प्रधानमंत्री नेतान्याहू हांच्या दृष्टिकोनाची तोखणाय केली.

विदेश वेव्हार मंत्र्यांनी इस्रायलच्या अर्थ आनी उद्देग मंत्र्यांचीय भेट घेतली. दोनूंय फुडा-यांनी गुंतवणूक आनी सहकार्याचेर चर्चा केली. भारत आनी इस्रायल देशांमदी मुक्त वेपार कबलात बेगीनूच जातलो असो विस्वास लेगित डॉ. जयशंकर हांणी उक्तायलो.

जितेंद्र सिंह - ५०

विज्ञान आनी तंत्रगिज्ञान विभागाच्या खाला येता त्या भारतीय सर्वेक्षण संस्थेवतीन आयज नवी दिल्लीत "भूस्थानीक मिशन - विकसित भारताच्या दिकेन" ह्या विषयाचेर एक कार्यशाळा आयोजित केल्या. विज्ञान आनी तंत्रगिज्ञान राज्यमंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह यशोभूमीत ताचे उक्तावण करतले. शारी नियोजन, पर्यावरण वेवस्थापन आनी मुळाव्या सुविधांच्या उदरगतीत भूस्थानिक तंत्रगिज्ञान महत्त्वाची भूमिका वठयता.

45

1971 वर्साच्या झुजांत पाकिस्तानाचेर भारतान

केल्ल्या जैताचो उगडास करपा खातीर काल देशांत विजय दिस मनयतात.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सीपी राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, घरमंत्री अमित शाह आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी तशेच राज्यसभेन लेगीत काल 54व्या विजय दिसा निमतान बलिदान दिवपी वीर हुतात्म्यांक आर्गां ओपल्यात .

Bytes

३५

संवसारीक अनिश्चितताय आसून लेगीत भारतान फाटल्या 7 म्हयन्यांत

दर्यामळावेल्या निर्गतीत 20 टक्क्यांनी वाड केल्या अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी

उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. Bytes

नितीन नबीन - ३०

भारतीय जनता पक्षाचे राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी काल दिल्लीत केंद्रीय मंत्री आनी पक्षाच्या वरिष्ठ फुडा-यांची भेट घेतली. हातूंत पक्षाचे ज्येष्ठ फुडारी लालकृष्ण अडवाणी, केंद्रीय मंत्री अमित शहा, नितीन गडकरी आनी भूपेंद्र यादव हांचो आस्पाव आशिल्लो.

रेल्वे – ९०

रेल्वे मंत्रालयान प्रवाशांच्या सोयीखातीर, रेल्वे मुळाव्यो सुविधा घटमूट करपाखातीर आनी नितळसाण तशेच रेल्वे कामकाज सुधारपाखातीर जायती पावला उखल्ल्यात. हे उपक्रमांखाला, २०१९त वंदे भारत एक्सप्रेस सुरू केली आनी आता ताची संख्या १६४ चेर पावला. मेक इन इंडिया उपक्रमांखाला बांदील्ल्या या गाड्यांमदी स्वयंचलित दरवाजे, फिरती सीटा, बायो-व्हॅक्यूम टॉयलेट, जीपीएस-आधारित प्रवासी

माहिती प्रणाली आनी सीसीटीव्ही कॅमेरे हांचो आस्पाव आसा.तेचप्रमाण, सध्या २,६०० परस चड रेल्वे स्थानकां सौरऊर्जेचेर चलतात. ताकालागून २०३० मेरेन कार्बनमुक्त जावपाचे रेल्वेचे ध्येय साध्य जावपाक मजत जातली. रेल्वेची इंजिन उत्पादन क्षमता लेगित वाडल्या. काल, बनारस लोकोमोटिव्ह वर्क्सीन तांचे सव्वे स्वदेशी निर्मित ३००-हॉर्सपावरचे एसी-एसी डिझेल-इलेक्ट्रिक लोकोमोटिव्ह मोझांबिकाक पावयले.

**IMD-WEATHER - 110**

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज उत्तर अंतर्गत कर्नाटक, तेलंगणा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात थंड ल्हारांचो अदमास काडला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण उत्तर प्रदेश आनी उदेंत मध्य प्रदेशांत काय सुवातींनी सामकी दाट धुक्याची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा. अस्तंत राजस्थान, पंजाब, उत्तराखंड, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली आनी हिमाचल प्रदेशांतल्या काय वाटारानीं दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा. अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा आनी ओडिशा हांगाय अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.

क्रिकेट - ५०

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी चलतल्या पाच टी-२० खेळामाळेतलो चौथो खेळ आयज लखनौत जातलो. हो खेळ सांजे ७क जातलो. हे खेळामाळेत भारता २ आड १ अशीं आघाडी घेतल्या. पाचवो आनी निमणो खेळ शुक्रारा अहमदाबादात जातलो.

भलायकेच्या कारणाक लागून अष्टपैलू खेळगडो अक्षर पटेल हे ख़ेळामाळेतल्यान भायर पडला. ताच्या सूवातेर शाहबाज अहमदचो भारतीय पंगडात आस्पाव केला.